# राज्यपालाहस्तूकीं 'एज्यूकेशन चॅलेंज-गोवा' नेमाळ्याचे विमोचन

ता. 21 फेब्रूवारी 2018
2 फाल्गून 1939

मनीस जात ही शरीर, मन आनी आत्म्याचे मूर्तरूप आसा आनी ह्या सगळ्या घटकांचो एकत्रित विकास म्हळ्यार मनशाची पवित्र जडणघडण आसा, जी सदृढ समाजाखातीर आवश्यक आसा, अशें गोंयची राज्यपाल डॉ. श्रीमती मृदुला सिन्हा हांणी आयज पाटो-पणजी हांगा जॉय ऑफ गीव्हिंग फाऊंडेशन उतोर्डा वतीन आयोजीत कार्यक्रमात 'एज्यूकेशन चॅलेंज-गोवा' ह्या नेमाळ्याच्या नवीन आवृत्तीचे विमोचन केल्ल्या उपरांत उलयतांना सांगलें.

डॉ. सिन्हा हांणी फुडें म्हणले, विद्यार्थी आनी शिक्षकामदी इश्टागतीचे नाते आसपाक जाय, जे वरवी विद्यार्थी आनी शिक्षकामदी ओड निर्माण जावन एकामेकामदी सुसंवाद वाडटलो. शिक्षण संबंदीत प्रस्न सोडवप, शिक्षणाच्या मळार नव्यो संकल्पना राबोवप, गुणवान विद्यार्थ्यांक शिश्यवृत्ती दिवन तांका प्रोत्साहन दिवप आनी समाजाच्या विकासाखातीर कटीबद्द जावपाचो उद्‌देश दवरून सूरू केल्ल्या नेमाळ्याखातीर राज्यपालान फाऊंडेशनाची तोखणाय केली.

जॉय ऑफ गीव्हिंग फाऊंडेशनाचे अध्यक्ष आनी एज्यूकेशन चॅलेंज-गोवा चे संपादक श्री. ऑस्कर गोन्साल्विस हांणी ह्या नेमाळ्याच्या माध्यमातल्यान शैक्षणिक प्रस्न सोडोवपाक आनी शिक्षणाच्या मळार नव्यो संकल्पना मुखार येवपाक मदत जातली, तशेंच विद्यार्थ्यांक मार्गदर्शन आनी प्रोत्साहन मेळटले, अशें सांगले.

ट्रस्टाचे वांगडी श्रीमती इमॅक्यूलेट गोन्साल्विस, श्रीमती सँड्रा गोन्साल्विस, श्री. तोमाझिन कार्दोज, प्रो. रघूवीर वेर्णेकर ह्यावेळार हजर आशिल्ले.

श्री. मान्यूएल डिसौझा हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.